Akashvani Panaji Regional news 7.20 pm 12th October 2025

Film jawdekar 105

गोंयचे सूपूत आनी प्रतिभावान दिग्दर्शक आदित्य सुहास जांभळे हांणी 'आर्टिकल 370' ह्या हिंदी चित्रपटा खातीर प्रतिश्ठीत फिल्मफेअरचो 'उत्कृष्ट दिग्दर्शक (पदार्पण)' पुरस्कार मेळयला. आदित्य जांभळे हे फिल्मफेअर पुरस्कार जिखपी पयलेच गोंयकार थारले. अहमदाबादांत 70 व्या फिल्मफेअर पुरस्कार सुवाळ्याचें आयोजन केल्लें. हे कार्यावळी वेळार तांणी हो पुरस्कार अभिनेतो अक्षय कुमार हांचे कडल्यान स्विकारलो. तांकां दोन फावटीं दिग्दर्शक, लेखक आनी अभिनेते म्हणू राष्ट्रीय पुरस्कार फावो जाल्यात. 2016 वर्सा तांणी दिग्दर्शित केल्लें 'आबा, ऐकताय ना?' या लघुपटा खातीर तांकां सर्वोत्कृष्ट दिग्दर्शक म्हणून राष्ट्रीय पुरस्कार मेळिल्लो. तांचो दुसरो लघुपट 'खरवस' 2018 वर्सा सर्वोत्कृष्ट लघुपट म्हणून राष्ट्रीय पुरस्कार जैतिवंत थारलो. 'इफ्फी2018'त 'खरवस' सिनेमाक इंडियन पॅनोरमा विभागांत 'ओपनिंग फिल्म' चो मान मेळिल्लो.

Chartered accountant

---

आयज गोंयांत ICAI लोकसेवेंतल्या ICAI वांगड्यांची निवासी बसकेंत उलयतना प्रसार भारतीचे अध्यक्ष नवनीत कुमार सहगल हांणी, भारताचा अर्थवेवस्थेक संवसारभर नामना मेळटा अशे तांणी सांगले . संवसारांतली एक व्हडली अर्थवेवस्था आशिल्ली भारत सुमार 6.8 ते 7 टक्क्यांनी बळिश्ट गतींत वाडत आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें . हो दर हेर खंयच्याच व्हड अर्थवेवस्थे कडेन जुळना आनी भारता विशीं संवसारीक धारणा नेटान बदलत आसा, आनी आतां परदेशांतले लोक आमच्या देशाक चड तोखणायेन आनी आदरान पळयतात अशें तांणी सांगलें.विकसित भारताची दृश्टी साकार करपाक चार्टर्ड एकाउंटंटांची भुमिका 2047 ह्या विशयाचेर ह्या वेळार तांणी भर दिलो .

---

PM FARMERS 132

पीएम धन धान  कृशी येवजण आनी मिशन फॉर आत्मनिर्भारत इन पल्सांत देशांतल्या लाखांनी शेतकारांच्या नशीबांत बदल घडोवन हाडटले अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें . स्वावलंबन, ग्रामीण सशक्तीकरण, शेतकी नवनिर्माण हांचो नवो युग सुरू करपा खातीर ह्यो येवजण्यो तयार केल्यात अशें तांणी सांगलें. देशाचे शेतकी वेवस्थेंत नेटान उदरगत आनी सुदारणा करपाची गरज तांणी उक्तायली. नवी दिल्लींत 42 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या प्रकल्पांचें आनी येवजण्यांचें उक्तावण आनी बुन्याद घाल्या उपरांत प्रधानमंत्री एका मेळाव्याक मार्गदर्शन  करताले.शेतकी उत्पादकता वाडोवप, पिकां विविधताय आनी शाश्वत  शेतकी पद्दत आपणावप वाडोवप आनी शिंपणावळ सुविधा सुदारप ह्या उद्देशान 24 हजार कोटी रुपयांच्या खर्चान पीएम धन धन्या कृषी येवजण सुरू केल्या. 11 हजार 440 कोटी खर्च करून पल्सांतल्या आत्मनिर्भारताचें मिशन सुरू केलां. दाळांची उत्पादकता पातळी वाडोवप आनी दाळांच्या लागवडीखाला आशिल्लो वाठार वाडोवप हो ताचो हेत आसा.

--------------------------------------------------------------------------------------------------------------------------------

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

---

Subhash jan quiz  93

विकसीत भारत युवा संसद २०२६ क्विझ सर्तीत १८ ते २५ वर्सा पिरायेच्या गोयंकार तरनाट्यांनी व्हडा संख्येन वांटेकार जावंचे अशें गोंय खेळ आनी तरनाटे वेवहार खात्यान मांगलां. ह्या ऑनलायन क्वीझ सर्तीच्या मुळाव्या पांवड्यार चडान चड सर्तक तरनाट्यांनी वांटेकार जावन ह्या सर्तीत गोंयचे नाव पर्जळीत करचे अशें आवाहन राष्ट्रीय सेवा योजना विभागान केलां. विकसीत भारत 2047 खातीर फुडारपण, नागरी सहभाग आनी धोरणात्मक चर्चा,तशेंच विद्यार्थ्यांक मुखेल राष्ट्रीय

प्रस्नांचेर विचार करपाक सक्षम करप असो ह्या सर्तीचो मुखेल हेत आसा. जिल्लो राज्य आनी राष्ट्रीय पांवड्रपा ही सर्त जातली. २९ सप्टेंबर, २०२५ सावन जिल्लो पांवड्यार ह्या सर्तीक सुरवात जाल्या.

---

Subhash jan संचालनालया 107

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान राज्यांतल्या उच्च माध्यमीक आनी महाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांक विकसीत भारत बिल्डथॉन सर्तींत वांटो घेवपाचें आवाहन केलां. ६ वी ते १२ वी मेरेनच्या विद्यार्थ्यांक हे सर्तींत वांटो घेवंक मेळटा. ह्या सर्तींतल्यान विद्यार्थ्यांक विकसीत भारत आनी व्हॉकल फॉर लॉकल आनी समृध्द भारता खातीर संस्कृताय हे मध्यवर्ती संकल्पनेचेर आपले विचार आनी सुचोवण्यो मांडच्यो पडटल्यो. विकसीत भारत 2047 चें सपन साकार करपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी विद्यार्थ्यांक केल्ल्या आवाहना प्रमाण बिल्डाथॉन सर्त घडोवन हाडल्या. विकसीत भारत 2047 चें सपन साकार करपा खातीर आपल्यो सृजनशील सुचोवण्यो आनी येवजण्यो सादर करच्यो तशेंच चडांत चड विद्यार्थ्यांक हे सर्तींत वांटो घेवपाक प्राचार्य आनी मुख्याध्यापकांनी विद्यार्थ्यांक तेकों दिवेचो अशें खेळां खात्यान मांगलां.

---

Rama kankonkar jawdekar 129

समाज वावुरपी रामा काणकोणकार हांणी पयली दिल्ल्या जबाबांत खंयच्याच राजकारणाचो हल्ल्यांत हात आसा अशें म्हणूंक नाशिल्लें. मात तांणी आतां जवाब बदलला. तांणी नव्यान केल्ल्या दाव्यां प्रमाण चवकशी करतले. रामा आनी ताच्या कुटुंबियांक पुलीस सुरक्षा दिल्या अशी म्हायती उतर गोंय पुलीस अधीक्षक राहुल गुप्ता हांणी दिली.शेनवारा समाजीक कार्यकर्तो काणकोणकार हांकां गोमेकॉंतल्यान डिस्चार्ज दिलो. हे विशीं तपासाची म्हायती दिवपा खातीर पुलीस महासंचालक आलोक कुमार हांणी पत्रकार परिशद घेतली. ह्या वेळार अधीक्षक गुप्ता हांणी ही म्हायती दिली. उपअधीक्षक तशेंच तपास अधिकारी सुदेश नायक आनी निरीक्षक विजयकुमार चोडणकारूय ह्या वेळार हजर आशिल्ले. रामा काणकोणकार हाचेर 18 सप्टेंबराक करंझाळे हांगा हल्लो जाल्लो. हे विशीं पणजी पुलिसांनी गुन्यांव दाखल करून ह्या प्रकरणांत वाटो आशिल्लो

संशयित अँथनी नादार, फ्रान्सिस नादार, मिंगेल आरावजो, मनीष हडफडकर, सुरेश नायक, फ्रांको डिकॉस्टा आनी साईराज गोवेंकार ह्या सात दुबावितांक अटक केल्ली.

---

Goa gst 183

जीएसटीची नवी सुदारणा गोंयचे अर्थवेवस्थेक खास करून शेतकार, कारागिर, पर्यटन खेळगडे आनी ल्हान वेवसायांक येवकाराची चाल आसा. सुदारीत संरचने खाला पयलीं 12 ते 18 टक्के जीएसटीचो सामना करपी काजूच्या उत्पादनांक आतां फकत 5 टक्के ओडून घेतात, जाका लागून किरकोळ दर उणे करपाक आनी स्पर्धात्मकताय सुदारपाक मदत जाता.. 18 टक्क्यां वयल्यान 5 टक्क्यां मेरेन स्थलांतरीत जाल्ल्या प्रसाधन सामग्री, मेजवानी आनी नाश्त्याच्या पुरवण सारकिल्या वस्तूंचे दर सुमार 11 टक्क्यांनी उणे जातले.

Weather

---

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 32 अंश  celcius आनी उण्यात उणे तापमान 25 अंश  celcius इतले आसतले.

---

---

Sports

गोय टेनिस बॉल क्रिकेट संघटनेन राष्ट्रीय सब जुनिअर १७ वारसा पिराये सकयल  चले आनी चालियांचो टेनिस बॉल क्रिकेट सरती खातीर पंगड वेचले . सरत १४ ते १७ ऑक्टोबराक राजस्थानातल्या दौसांत जातली